<u>प्रादेशिक खबरो</u>

१३.०५.२०२६ 7.20 pm

३१ मे क प्रसारीत जावपी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 'मन की बात' कार्यावळीच्या १३४ साव्या कार्यावली खातीर लोका कडच्यान सुचोवण्यां मागयल्यांत

बिट्स पिलानी हे शैक्षणिक संस्थेत शिकपी आनीक एका विद्याऱ्थ्यान आत्महत्या कर पाच्या फाटभुयेर दक्षिण गोंय जिल्हो समितीन दखल घेवन तेविशीं चवकशी सुरु केल्या

येत्या शैक्षणीक वर्सा खातीर सरकारी महाविद्यालयांनी कंत्राटी आनी व्याख्याते तत्वाचेर २६५ पदां भरतले.

नावेलीत १३ ते १८ मे मजगती अखिल भारतीय १३ वर्सा सकयली सब जुनियर मानांकन बेड मिनटन सरत सुरु आसा

Subhash 160

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 'मन की बात' कार्यावळीच्या १३४ साव्या कार्यावली खातीर लोका कडच्यान सुचोवण्यां मागयल्यांत. ३१ मे क'मन की बात' कार्यावळीच्या ह्या भागाचे प्रसारण जातलें. ह्या खाशेल्या भागा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांकडच्यान आपले विचार, अभिनव संकल्पना आनी म्हत्वाच्या समाजीक प्रस्नांचेर सुचोवण्यो मांगयल्यात. लोकांच्या सहभागांतल्यान राष्ट्रनिर्माणाचो हो प्रवास चड प्रभावी करपा खातीर सामान्य लोकांनी आपल्यो सुचोवण्यो थेट प्रधानमंत्र्यांकडेन धाडच्यो अशें तांणी मांगला.लोकांनी आपलीं सुचोवण्यो ‘मायगॉव’ ह्या उक्त्या मंचाचेर धाडच्यो वा 1800-11-7800 हो टोल फ्री नंबराचेर फोन करून दिवंच्यो. हांतूतल्यो कांय सुचोवण्यो लायव्ह प्रसारणा वेळार प्रधानमंत्र्यांच्या भाशणाचो भाग जावंक शकतात. सुचोवण्यो धाडपा खातीर नागरिकांनी 1922 ह्या क्रमांकाचेर मिस्ड कॉल दिव येता. मिस्ड कॉल केल्या उपरांत मेळिल्ल्या एसएमएसांतल्या लिंकाचेर क्लिक करून नागरिक आपलीं सुचोवण्यो थेट प्रधानमंत्र्याक धाडूंक शकतात. ही कार्यावळ आकाशवाणी, दूरदर्शन आनी वेगवेगळ्या डिजिटल प्लॅटफॉर्मांचेर आयतारा, ३१ मे क सकाळीं ११ वरांचेर प्रसारीत जातली. चडांत चड नागरिकांक, खास करून तरणाट्यांक आनी शिक्षणीक क्षेत्रांतल्या लोकांनी हातूंत वांटो घेवचो आनी आपले विचार मांडचे आनी हो संवाद समृध्द करचो अशें आवाहन केलां.

रश्मी 80

गोंयांत पेट्रोलाचो उणाव ना अशें गोवा पेट्रोल डिलर्स असोसिएशन संघटनेन पत्रकार परीशद घेंवन स्पश्ट केला.गोयांत इंधनाचो मुबलक साठो आसा अशी म्हायती ह्यावेळार संघटनेचे अध्यक्ष नरहर ठाकुर हांणी दीला. गोंयात दर सप्तकांत नेमान पेट्रोल टँकर येवपाक लागल्यात. पेट्रोलाच्या दरांत उतार-चढाव हे वीशी आजुनतरी कांय आदेश येंवक ना अशे तांणी म्हळा.

सुशांत 140

सांकवाळ हांगाच्या बिट्स पिलानी हे शैक्षणिक संस्थेत शिकपी आनीक एका विद्यार्थ्यान आत्महत्या करपाची घडणूक उक्ताडार आयल्या. हे खबरेची दक्षिण गोंय जिल्हो समितीन दखल घेवन तेविशीं चवकशी सुरु केल्या. दक्षिण गोंयची जिल्होधिकारी आनी ह्या जिल्हो समितीच्यो अध्यक्ष एग्ना क्लिटस हांणी आयज पत्रकारांक ही म्हायती दिली. ह्या विद्यार्थ्याच्या कुडीचे पोस्टमार्टेम जाले उपरांत हेविशी अदिक म्हायती मेळप शक्य आसा अशें तांणी सांगलें.

आयज सकाळी वेर्णा पोलिसाक ह्या आत्महत्या प्रकरणाची म्हायती मेळ्ळया उपरांत तांणी घडणुकेच्या जाग्यार वचून मुळावी चवकशी सुरु केल्या. जिल्हो समितीच्या वांगड्यांनी ह्या सुवातेर वचून आयज पळोवणी केली. बिट्स शिक्षण संस्थेत शिकपी विद्यार्थ्याक मानसिक भलायकीविशी आदार मेळचो ह्याखातीर फावो ते उपाय घेतल्यात. तरीय आत्महत्या कित्याक जातात हेविशीं समिती चवकशी करतले अशें तांणी सांगलें.

इतले मजगती, साश्ट तालुक्यातल्या एका गावात एका बारावेची परीक्षा दिल्ल्या १७ वर्सांच्या विद्यार्थ्यान आत्महत्या केल्ल्याची कागाळ मायणा कुडतरी पोलिसात नोंद जाल्या हेविशी पुलीस चवकशी करतात अशी म्हायती मायणा कुडतरी पोलीस स्टेशनाचे निरीक्षक कपील नायक हांणी दिल्या.

गणेश 110

येत्या शैक्षणीक वर्सा खातीर सरकारी महाविद्यालयांनी कंत्राटी आनी व्याख्याते तत्वाचेर २६५ पदां भरतले. साहाय्यक प्राध्यापक, समुपदेशक, ग्रंथपाल पदां खातीर उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागोवपी जायरात जारी जाल्या.सरकारी महाविद्यालय सांखळे, सरकारी

महाविद्यालय खांडोळा, सरकारी महाविद्यालय केपें, संत सोहिरोबानाथ आंबिये सरकारी महाविद्यालय विर्नोडा, सरकारी महाविद्यालय मडगांव, गृहविज्ञान महाविद्यालय कांपाल आनी संगीत महाविद्यालय आल्तिनो या महाविद्यालयांत ही पदां भरतले. बायोटेक्नोलॉजी, बॉटनी, बिझनेस लॉ, ऑर्गेनिक केमिस्ट्री, इनऑर्गेनिक केमिस्ट्री, कॉमर्स, कॉम्प्युटर सायन्स, इकोनॉमिक्स, इलेक्ट्रॉनिक्स, इंग्लिश, हिंदी, जॉग्राफी,0020, जीओलॉजी, हिस्ट्री, कोंकणी, मराठी, मॅथेमेटिक्स, मायक्रोबायोलॉजी, मॅनेजमेंट, फिजिक्स, पॉलिटिकल सायन्स, सायकोलॉजी, सोशिओलॉजी, स्पोर्टस सायन्स, झुओलॉजी, फूड न्युट्रिशन, टेक्स्टाईल ऍण्ड क्लोथिंग, ह्युमन डेव्हलपमेंट, तबला, हार्मोनियम, वोकल, थिएटर आर्टस, लायब्ररियन, शारीरिक शिक्षण संचालक, महाविद्यालय समुपदेशक अशीं हीं पदां आसात.

गणेश 90

वाळपयच्या कम्युनिटी हेल्थ सेंटरांत जाल्ल्या कथीत वैजकी घाळपणाक लागून पांय वगडायिल्ल्या सत्तरीच्या ११ वर्सांच्या भुरग्याच्या कुटुंबियांक, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आपल्या वयक्तीक ट्रस्टा वतीन २५ लाख रुपयांची अर्थीक मजत जाहीर केल्या. ही घडणूक दुर्दैवी आसा आनी फुडें अशीं घडणूक जावंची न्हय म्हूण सरकारान सगळ्या सरकारी हॉस्पिटलांची तपासणी करपा खातीर आनी खर वैजकी नेम तयार करपाखातीर भलायकी सचिव, भलायकी सेवा संचालक, भलायकी विभागाचे सल्लागार फ्रेझेला अरौजो आनी हेर अधिकाऱ्यांचो आसपाव आशिल्ली एक समिती स्थापन केल्या, अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

जाण 80

ललितप्रभा नाट्यमंडळ वळवई, सरकारी प्राथमिक विद्यालय वळवई आनी रोटरी क्लब पणजी हांणी जोड पालवान 'स्व. मधुकर पि. शेट स्मृती सृजनोत्सव २०२६' या गिमाळी कार्यशाळेचे आयोजन केलां. ही कार्यशाळा १५ ते २४ मे २०२६ या काळात वळवई हांगा जातली. हांतूत 'नाट्यशास्त्र' आणि 'कलांगण' अशें दोन स्वतंत्र विभाग निश्चित केल्यात. माध्यमिक व उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर 'नाट्यशास्त्र' कार्यशाळा जाल्यार , ल्हान भुरग्यांच्या कलाविष्कारासाठी 'कलांगण' कार्यशाळा आयोजीत केल्या. ह्या कार्यशाळेसाठी ५००/- रुपये देणगी प्रवेश शुल्क भरचें पडटलें .

Annct 80

आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता.पदवीधर आनी पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची.कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाची कुशळताय,प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आस्पाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

DIP 100

'पंडित योगराज नायक प्रतिष्ठान', कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सहकारयान , सरगेस्त पंडित योगराज नायक हांकां संगीतात्मक श्रद्धांजली कार्यावळ 'स्वरयोगी 2026' घडोवन हाडल्या .ही कार्यावळ फाल्या , १४ मेक सांजवेळा ६:०० वरांचेर पणजी पाटो हान्गाच्या कला आनी संस्कृती विभागांच्या 'संस्कृती भवन' ह्या बहुउद्देशीय हॉलांत जातली. मुखेल सोयरे गोंय राज्य जैव विविधताय मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ.प्रदीप सरमोकादम आनी कला आनी संस्कृती विभागाचे संचालक, विवेक नायक आसतले.

ह्या संगीत कार्यावळींत नामनेचे कलाकार पंडित सत्यजीत तळवळकर तबला आनी पंडित रवी चारी सितार वादन करतले. ह्या कान्यक्रमांतलो एक खाशेलो विभाग 'विद्यार्थ्यांच्या गौरव सुवाळ्याक' समर्पित आसा ज्यांतून सितारवादन देवंशी हरमलकर आनी तबला सादरी करण कौस्तुभ चारी हांचे आसतले.

सुशांत 100

पावसावेळार येवपी अडचणी आनी आपत्कालीन कामा करपाखातीर दक्षिण गोंय आनी कुशावती या दोनूय जिल्ह्यांतल्या प्रत्येक तालुक्यात नियंत्रण केंद्र सुरु करपाचे आदेश या दोनूय जिल्ह्यांची जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी दिल्यात.पावसा आदल्या कामाचा

नियाळ घेवपाखातीर आयज क्लिटस हांच्या यजमानकेखाला जिल्हो आपत्कालीन समितीची बसका जाली. ह्या बसकेत अतिरिक्त जिल्होधिकारी रमेश गावकार, उपजिल्हाेधिकारी वेल्टन टफ्नीस, वेगवेगळ्या पालिकांचे मुखेल अधिकारी तसेच भाग उदरगत अधिकारी हाजीर आसले. दोनूय जिल्हयात गटारां आनी नाले निवळ करपाचे काम ५० टक्के पुराय जाला. आनी वीज खात्यान रस्त्या देगेक अशील्ल्या भिरांत उप्रासपी झाडांच्यो फांदयो कापपाक सुरवात केल्या. ज्या सुवातींनी पावसात हुंवार येवपाची शक्यता आसा थंय भिरांतेची शिटकावणी दिवपी तक्ते लायल्यात अशी म्हायती ह्यावेळार संबंधित अधिकाऱ्यांनी दिली.

Pm 70

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी विशेष संरक्षण गट (एसपीजी) नियमावलीप्रमाण अनिवार्य आशिल्यो सगळ्यो आवश्यक सुरक्षा व्यवस्था कायम दवरत, हालीच्या देशांतर्गत दौऱ्या वेळार आपल्या ताफ्याचो आकार लक्षणीयरीत्या कमी केला . सूत्रांप्रमाण, प्रधान मंत्रयांच्या ताफ्यातल्या वाहनांची संख्या कमी करपाची ही कृती त्यांच्या हालीच्या गुजरात आणि आसाम दौऱ्या वेळार केली. पश्चिम आशियातल्या संकटाच्या फाटभुयेर आयात केल्या इंधनार निंबुन रावप कमी करून आणि पर्यावरणाक अनुकूल पर्याय आपणावन आर्थिक लवचिकते खातीर योगदान दिवपाक ताणी नागरिकां क केल्या सात आवाहनांच्या अनुषंगान हे पावल उबारला

बाल पुरस्कार 50

५ ते १८ वरसा वयोगटातल्या भुरग्यां खातीर प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार २०२६ क नामांकना मागयल्यात. प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार हो देशभरातल्या भुरग्यांच्या असाधारण कामगिरीक मान्यताय दिवपाक भारताची राष्ट्रपतीं दरवरसा प्रदान करतात तो एक प्रतिष्ठित राष्ट्रीय स्तरा वेलो पुरस्कार.

स्पोर्ट्स 20

नावेलीच्या मनोहर पर्रीकर इनडोर स्टेडियमात १३ ते १८ मे मजगती अखिल भारतीय १३ वर्सा सकयली सब जुनियर मानांकन बेड मिनटन सरत सुरु आसा

वेदर 30

हवामान खात्याच्या अदमासा प्रमाण आज ते 18 मे मरेन गोंयांत उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती चालूच उरपाची शक्यताय आसा. आज कमाल तापमान 36 डिग्री सेल्सियस आणि किमान 28.7 डिग्री सेल्सियस नोंद जाला